१७-०४-२०२६

सकाळी : ८.४०

राश्ट्रीय खबरो :

मुखेल खबरो :

लोकसभेत आयज संविधान विधेयक, २०२६, सीमांकन विधेयक, २०२६ आनी केंद्रशासित प्रदेश कायदो (सुधारणा) विधेयक, २०२६ हांचेर परतून सुरु जातली चर्चा.

मतदारसंघ पुनर्रचणणूके उपरांत दक्षिणेतल्या राज्यांच्या लोकसभा सूवातांची संख्या उणी जावची ना अशें केंद्रिय घरमंत्री अमित शहा हांणी म्हळा.

राज्यसभेंत आयज सभाघरांत उप सभापती पदाखातीर वेंचणूक जातली.

फ्रान्सचे राष्ट्राध्यक्ष इमॅन्युएल मॅक्रॉन हांणी काल  प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचेकडेन फोनावरवी संवाद सादलो.

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत, काल राती मुंबयत जाल्ल्या खेळात पंजाब किंग्स पंगडान मुंबई इंडियन्स पंगडाक ७ गड्यांनी  हारयले.

लोकसभा - ४००

काल राती उसरामेरेन लोकसभेचे कामकाज सुरू आशिल्ले. हे सत्रावेळार, संविधान (एकशे एकतीसवी सुधारणा) विधेयक, २०२६, परिसीमन विधेयक, २०२६ आनी केंद्रशासित प्रदेश कायदे (सुधारणा) विधेयक, २०२६ हांचेर चर्चा जाली. लोकसभा आनी राज्या तशेच केंद्रशासित प्रदेशांच्या विधानसभेतल्या महिला वांगड्यांची संख्या वाडोवप हो ह्या तीन विधेयकांचो हेत आसा.

नारी शक्ती वंदन कायद्याकडेन संबंधित आशिल्ल्या संविधान (एकशे एकतीसवी सुधारणा) अधिनियम, २०२३ त लोकसभा आनी विधानसभेतल्या सुमार एक-तृतीयांश सूवातो बायलांखातीर राखीव दवरल्यात. लोकशाय वेवस्थेंत बायलांचो चड वांटो सुनिश्चीत करपाचो हाचो हेत आसा. मतदारसंघांची पुनर्रचणूक सुलभ करपाखातीर आनी लोकसभा आनी विधानसभेत बायलांखातीर एक-तृतीयांश सूवातो राखीव दवरपाच्या तरतुदींची अंमलबजावणी करपाखातीर ही तीन विधेयका सादर केली. कायदो मंत्री अर्जुन राम मेघवाल हांणी काल लोकसभेत संविधान (एकशे एकतीसवी सुधारणा) विधेयक, २०२६ सादर केले. लोकसभेच्या सूवातांची संख्या ५४३ वेल्यान ८५० मेरेन वाडोवप हो ह्या विधेयकाचो मुखेल हेत आसा. ८५० सूवातापेकी ८१५ वांगडी राज्यांतल्यान आनी ३५ केंद्रशासित प्रदेशांतल्यान वेचून काडटले. केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह हांणी काल लोकसभेत केंद्रशासित प्रदेश कायदे (सुधारणा) विधेयक, २०२६ सादर

केले. लोकसभेत ह्या तीन विधेयकांवेल्या चर्चेवेळार, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी देशाच्या ५० टक्के लोकसंख्येचो निर्णय प्रक्रियेत आस्पाव जावपाक जाय हाचेर भर दिलो. देशाच्या उदरगतीत बायलां म्हत्त्वाची भूमिका वठयतात आनी धोरणनिर्मितीत तांका फाव तीतले प्रतिनिधित्व दिवप ही काळाची गरज आसा, आनी तो तांचो हक्क आसा, अशेंय प्रधानमंत्र्यांनी सांगले. पूराय राजकी वेवस्था खूप दसकांसावन हो हक्क काडून घेवपाखातीर सामूहिकपणान गुन्यांवकारी आसात, ताकालागून हे विधेयक ताचे एक प्रायश्चित्त, अशेंय प्रधानमंत्र्यांनी सांगले.

ह्या इतिहासिक विधेयकाचे राजकारण करचे न्हंय अशें आवाहन लेगित प्रधानमंत्र्यांनी विरोधी पक्षाक केले. ह्या विधेयकाक लागून सगळ्यांक आनी देशाच्या लोकशायेक व्हड लाव जातलो, अशेंय ते उलयले फायदा होईल. धोरणनिर्मितीत सरकार 'सबका साथ, सबका विकास' ह्या भावनेला महत्त्व दिता अशेंय ते उलयले.

विधेयकांवेल्या चर्चेवेळार एका संक्षिप्त भाषणात, केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह हांणी मतदारसंघ पुनर्रचणणूकेउपरांत दक्षिणेतल्या राज्यांच्या लोकसभा सूवातांची संख्या उणी जातली हो विरोधी पक्षाचो हुस्को पैस केलो. प्रस्तावित कायद्याकलागून खंयाच्याच प्रदेशाच्या सूवातेत घट जावची ना आनी दक्षिणेतल्या राज्यांचे प्रतिनिधित्व वाडटले हे मंत्री शहा हांणी हेवेळार स्पश्ट केले. सध्या प्रतिनिधी सभेत दक्षिणेतल्या

राज्यांचे १२९ सूवातांचेर प्रतिनिधित्व आसा, जे ५४३ सूवातांपेकी सूमार २३.७६ टक्के इतले आसा अशेंय तांणी सांगले. नव्या लोकसभेचे बळगे १९५ मेरेन वाडटले अशेंय ते उलयले. लोकसंख्येतले बदल लक्षात घेवन संतुलन आनी निष्पक्षता दवरपाखातीर ही प्रक्रिया तयार केल्या. सरकारान सीमांकन आयोग कायद्यात कसलोच बदल करूंक ना अशेंय तांणी स्पश्ट केले.

## राज्यसभा उपसभापती वेचणूक

राज्यसभेंत आयज सभाघरांत उप सभापती पदाखातीर वेंचणूक जावपाची आसा. केंद्रीय मंत्री जे पी नड्डा, नामांकीत वांगडी हरिवंश हांका राज्यसभेचे उपसभापती म्हूण वेंचून काडचो, असो प्रस्ताव मांडटले. ह्या प्रस्तावाक भाजपाचे खासदार एस फेंगनॉन कोन्यक तेंको दितले. ते भायर, केंद्रीय मंत्री निर्मला सीतारमण आनी जयंत चौधरी, भाजपाचे अध्यक्ष आनी राज्यसभा खासदार नितीन नबीन आनी जदयू खासदार संजय कुमार झा हेवूय उपसभापती पदा खातीर, हरिवंश हांचें नांव प्रस्तावीत करपी प्रस्ताव, राज्यसभेच्या सभाघरात मांडपाचे आसात.

## पियुष गोयल

वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पियुष गोयल हांणी काल दक्षिण कोरियाचे वेपार मंत्री येओ हान-कू हांचेकडेन आभासी पद्दतीन बसका घेतली. दोनूंय फुडा-यांनी भारत आनी दक्षिण कोरिया हांच्यामदले द्विपक्षीय आर्थिक सहकार्य आनीक घटमूट करपाचेर चर्चा केली, अशें तांणी एका सोशल मीडिया पोस्टात म्हळा. हेवेळार गोयल हांणी दोनूंय देशांमदी एक व्यापक आनी परस्पर फायदेशीर भागीदारी मुखार व्हरपाच्या गरजेचेर लेगित भर दिला.

पीएम - मॅक्रॉन

फ्रान्सचे राष्ट्राध्यक्ष इमॅन्युएल मॅक्रॉन हांणी काल प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचेकडेन फोनावरवी संवाद सादलो. हे वेळार दोनूंय फुडा-यांनी अस्तंत आशियातल्या परिस्थितीचेर चर्चा केली अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी एका सोशल मीडिया पोस्टात म्हळा. होर्मुझच्या सामुद्रधुनीत मुक्त नौकानयन आनी सुरक्षा परतून सूरू करपाच्या गरजेचेर तांणी सहमती उक्तायली. तशेंच ह्या वाठारांत आनी ताचे भायर शांतताय आनी स्थिरताय मुखार व्हरपा खातीर घटमूट सहकार्य सुरू दवरपाविशीची वचनबद्धताय तांणी परतून उलोवन दाखयली.

स्टारमर - मॅक्रॉन

ब्रिटनचे प्रधानमंत्री कीर स्टारमर आनी फ्रान्सचे राष्ट्राध्यक्ष इमॅन्युएल मॅक्रॉन हे होर्मुझची सामुद्रधुनी परतून उक्तो करपाची आनी महत्त्वाचे दर्या मार्ग सुरक्षित करपाच्या यत्नांचेर चर्चा करपाखातीर संवसारीक फुडा-यांवांगडा आभासी बसका घेतले. ह्या शिखर परिषदेत सुमार ४० देशांचे फुडारी वाटेकार जावपाची शक्यताय आसा. ह्या प्रदेशात जहाजा आनी कर्मचाऱ्यांची सुरक्षा वाडोवपाखातीर आंतरराष्ट्रीय दर्यादेग संघटनेच्या (International Maritime Organization) वावराक तेंको दिवपाचेर लेगित चर्चा जातली. ब्रिटनच्या प्रधानमंत्री कार्यालयान दिल्ल्या निवेदनाप्रमाण, सामुद्रधुनी परतून उक्ती करपाच्या हेतान एक आंतरराष्ट्रीय मोहीम स्थापन करपाच्या योजनांचेर लेगित चर्चा जातली. हो प्रस्तावित उपक्रम पूरायपणान बचावात्मक स्वरूपाचो आसतलो आनी परिस्थिती अनुकूल आसल्यार तातूंत संयुक्त लष्करी दळाचो आस्पाव करतले अशेंय निवेदनात म्हळा. खबराकारांनी दिल्ल्या म्हायती प्रमाण, ब्रिटनचे प्रधानमंत्री कीर स्टारमर हे राश्ट्राध्यक्ष मॅक्रॉन हांचेवांगडा बसकेचे सह-आयोजन करपाखातीर आयज पॅरिसात वतले. जर्मनीचे चान्सलर फ्रेडरिक मर्झ हे लेगित ह्या शिखर परिषदेक हाजीर रावपाची शक्यताय आसा.

Om Birla

तमिळनाडूंतल्या कल्पकम हांगा देशी पद्धतीन तयार केल्या प्रोटोटाइप फास्ट ब्रीडर रिॲक्टरान क्रिटिकॅलिटीचो पावंडो हुंपील्ल्यान भारताच्या अणुऊर्जा कार्यावळींतल्या म्हत्वाच्या मार्गदर्शक तत्वाक काल लोकसभेन येवकार दिलो. भारताच्या वैज्ञानिक

प्रगती आनी तंत्रीक आत्मनिर्भरतायेच्या प्रवासांत ही एक म्हत्वाची कामगिरी अशें लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला हांणी म्हळा.

आयएमडी हवामान

भारतीय हवामान खात्यान आयज छत्तीसगढ, मध्य प्रदेश, महाराष्ट्र, कर्नाटक आनी रायलासीमा वाठारांत उश्णतायेचे ल्हार पातळपाचो अदमास उक्तायला. तशेंच आयज हिमाचल प्रदेश, जम्मू-काश्मीर आनी लद्दाख वाठारांत गाराच्या वादळा संयत, गडगड मारपाची शक्यताय आशिल्ल्यान हवामान खात्यान, ऑरेंज अलर्ट जारी केल्या. उप हिमालयन अस्तंत बंगाल, सिक्किम, उत्तराखंड, दर्यादेगेवेलो आंध्र प्रदेश, ओडिशा आनी राजस्थानात फाल्यां जगला आनी वादळी वाऱ्यासंयत गडगड मारपाचो, अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. आयज हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, कर्नाटक आनी पंजाब ह्या वाठारांतूय, अशीच परिस्थिती आसपाची शक्यताय आसा. आंध्र प्रदेश, कर्नाटक, गुजरात, केरळ, माहे, कोंकण, गोंय, ओडिशा, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल वाठारांत आयज उश्ण आनी दमट हवामानाची शक्यताय आसा, अशेंय आयएमडीन सांगलां.

आयपीएल

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत, काल राती मुंबयत जाल्ल्या खेळात पंजाब किंग्स पंगडान मुंबई इंडियन्स पंगडाक ७ गड्यांनी  हारयले. पयली फलंदाजी करताना, मुंबई इंडियन्स पंगडान निर्धारित २० षटकांत ६ बाद १९५ धावंड्यो केल्यो. उपरांत, पंजाब किंग्स पंगडान  ३ बाद १९८ धावंड्यो करुन मुंबय पंगडान दिल्ले मोख पूराय केले.  आयज अहमदाबादेत गुजरात टायटन्स कोलकाता नाईट रायडर्स पंगडा आड खेळतलो. हो खेळ सांजे ७:३०क जातलो.